panaji national 22.01.25 at 6.30 pm

बेटी बचाओ 130

बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ चळवळीक 10 वर्सां पुराय जाल्ल्यान ही चळवळ एक परिवर्तनकारी, लोक-संचालित उपक्रम जाल्या आनी सगळ्या थरांतल्या लोकांचो सहभाग तातूंत आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें की, ही चळवळ लिंगभेदांव पयस करपाक आनी चलयांक शिक्षण दीवपाक योग्य वातावरण तयार करपाक आनी तांचीं सपनां साध्य करपाक संद मेळपाक मदत केल्या. इतिहासीक नदरेन कमी बाल-लिंग गुणोत्तर आशिल्ल्या जिल्ह्यांतल्या म्हत्वाच्या सुदारणांचेर प्रधानमंत्र्यान भर दिलो. जागृताय मोहिमेक लागून लिंग समानतेचे महत्त्व सखोल जालां अशें तांणी सांगलें. उल्लेखनीय मार्गदर्शक तत्वां साध्य करपा खातीर लोकांच्या आनी वेगवेगळ्या समाजसेवेच्या संघटनांच्या समर्पीत यत्नांचे तांणी उपकार मानले. तशेंच तळागाळांतल्या हे चळवळीक उर्बा दिवपी सगल्या भागधारकांचीय ताणि तोखणाय केली. चलयांचे हक्कांचे रक्षण करप, तांचें शिक्षण सुनिश्चीत करप आनी भेदभाव करिनासतना ती भरभराटीक पावताली असो समाज तयार करपाचो उलो मोदी हांणी मारला.

---

**पीएम ओडिशा ६५**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 28 जानेवरीक भुवनेश्वरांतल्या जनता मैदानार 'उत्कर्ष ओडिशा: मेक इन ओडिशा परिशद 2025'चें उक्तावण करतले.

वेगवेगळ्या मळांचेर देशी आनी आंतरराष्ट्रीय गुंतवणूक वाडोवप हो ह्या परिशदेचो हेत आसा. ते भारता सयत सुमार 12 देशांतल्या उद्देजकांकडेन आनी गुंतवणूकदारांचे एके सभेक लेगीत संबोधीत करतले.

28 ते 29 जानेवारी मेरेन जावपी ह्या दोन दिसांच्या परिशदेंत ऑस्ट्रेलिया, मलेशिया, सिंगापूर, जपान आनी हेर कांय देशांतले गुंतवणूकदार वांटो घेतले.

---

श्रीवास्तव 90

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाची सचीव पुण्य सलीला श्रीवास्तव हांणी आयज देशांत वाडत आशिल्ल्या स्ट्रोकसाचेर उपाय काडपाची गरज उक्तायली. सध्या देशभरांत सुमार 500 स्ट्रोक युनिट्स काम करतात आनी खाशेल्या काळजीची व्यापक उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर नेटवर्क वाडयतले अशी म्हायती तांणी दिली. आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या नॅशनल स्ट्रोक समिट 2025 वेळार सचीव उलयताली.

देशातली ६६ टक्के मरणां असंसर्गजन्य दुयेंसांक लागून जातात अशें सुश्री श्रीवास्तवान सांगलें. वेळार हस्तक्षेप केल्यार स्ट्रोक टाळपाक मेळटा हाचेर तांणी भर दिलो.

देशांतल्या वाडत वचपी आव्हानाक तोंड दिवप, ताचो  प्रतिबंध आनी उपचारा विशीं जागृताय करप हो राष्ट्रीय स्ट्रोक शिखर सभेचो हेत आसा.

---

भारत मंडप 60

राष्ट्रीय राजधानींत भारत मंडपांत जावपी भारत मोबिलिटी ग्लोबल एक्स्पो-2025 हातूंत देशभरांतल्यान वाहन मोगी व्हड प्रमाणांत गर्दी करतात, थंय ते नव्यान सुरू केल्ल्या आनी प्रगत वाहनांचो सोद घेतात. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी विंटेज गाडयो हें पर्यटकांचे मुखेल आकर्शण. बाईक, स्कूटी, डिलिव्हरी वाहनां अशीं दुचाकी आनी तीन चाकीं वाहनांय लोकांक आकर्शीत करतात. भारत मोबिलिटी ग्लोबल एक्स्पोंतय बेगीनच बाजारांत लॉंच जावपी गाडयोय प्रदर्शित केल्यात.

---

चिराग पासवान १२०

अन्न प्रक्रिया उद्देगांतली कंपनी एबी इन बेवान भारतांत २५ कोटी डॉलर्सांची गुंतवणुक करपाचो निर्णय घेतला. केंद्रीय अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री चिराग पासवान हांणी हे कंपनीच्या प्रतिनिधीं वांगडा दावोसांत संवसारीक गुंतवणुक परिशदे मजगतीं चर्चा केले उपरांत ही म्हायती दिली.

देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी ह्या प्रकल्पाचीं  आस्थापनां आसतलीं आनी फुडल्या 2 ते 3 वर्सांत तीं  पुराय जातलीं  अशें तांणी सांगलें. अन्न प्रक्रिया उद्देगांत इतली व्हड प्रमाणांत गुंतवणूक जावपाची ही पयलीच खेप आसा. जाका लागून रोजगार आनी अर्थीक वाड जातली.

मजगतीं रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज दावोसांत स्वित्झर्लंड फॅडरल रेल्वेच्या शिश्टमंडळा कडेन चर्चा साधली. सुरक्षेचे तंत्रगिन्यान आनी आधुनीक देखरेखीच्यो पद्दती ह्या विशयाचेर ह्या वेळार चर्चा जाली. उपरांत मंत्री वैष्णव हांणीं सँट मार्गारॅट हांगाच्या रेल्वे डबे तयार करपाच्या कारखान्याक भेट दिली.

---

जयशंकर 120

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल रातीं अमेरिकेचे परराष्ट्र सचिव मार्को रुबियो हांचे कडे द्विपक्षीय बसका घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ. जयशंकर हाणी म्हणले की दोनूय फुडाऱ्यांनी व्यापक द्विपक्षीय भागीदारीचो नियाळ घेतलो आनी प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर विचारांची देवाणघेवाण केली. डॉ. काल रातीं वॉशिंग्टन डी.सी.त जाल्ले क्वाड परराश्ट्र मंत्र्यांचे बसकेकूय डॉ. जयशंकर हाजीर आशिल्ल. आपल्या सोशल मिडिया अकाउंटाचेर पोस्टांत जयशंकर हाणी सांगलां की ही बसका ट्रम्प प्रशासनाच्या उक्तावण दिसा जाल्ली. हातूंतल्यान आपल्या वांगडी देशांच्या परराश्ट्र धोरणाच्या प्राधान्यांचे परराष्ट्र धोरणात असलेल्या प्राधान्यार भर दिला अशें तांणी सांगलें. मुक्त, उक्तो, स्थिर आनी समृध्द भारत-पॅसिफीक प्रदेश सुनिश्चीत करपाच्या वेगवेगळ्या पैलूं चेर फुडाऱ्यांनी चर्चा केली अशें जयशंकर हांणी सांगलें. व्हड विचार करप, अजेंडा खोलायेन करप, सहकार्य वाडोवप हें म्हत्व तांकां मान्य आसा अशें मंत्री जयशंकर हांणी सांगलें.